Panaji

Regional News

11 September 2026 7.20 PM

गोंयात गोरवांक खावपाक लागता त्या चाऱ्याचो उणाव भरुन काडपाखातीर राज्य सरकारान आता गोंय चारो संसाधन उदरगत आराखडो मंजुर केला. गोंय पशुसंवर्धन खात्यावतीन हो आराखडो प्रत्यक्ष चालीक लांवन गोंय चारो कृती दळावरवी ह्या कामाचेंर लक्ष दवरपाचो निर्णय सरकारान घेतला. हे खातीर उत्तर गोंयातल्या 10 आनी दक्षीण गोयांतल्या 10 गावांनी चारो पिकावळीची शेती करपाचे सरकारान येवजीला. ह्या पायलट प्रकल्पाखातीर १.३८ कोटी रुपयांची तरतूद केल्या.

गोंयात दुदांचो वेवसाय करतात , तांका गोंरवाक लागपी चारो राज्यात मेळना, हो चारो शेजारच्या राज्यातल्यान मागोवचो पडटा. जाल्यार गोंयांत गरजेच्या तुळेत फकत 40 टक्केच चाऱ्याची पिकावळ घेतात.

गोंयचो पर्यटन हंगाम सप्टेंबर म्हयन्यासावंन सुरु जाता. आम्ही पर्यटकांक येवकार दिवापक सज्ज आसात, मात ते खातीर सरकारान गोंयच्या दर्यादिगेंचेंर शॅक घालपाक आमका बेगोबेग परवानगी दिवची अशी मागणी गोंय शॅक मालक संघटनेन आयज पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांची पणजे पर्यटन भवनांत भेट घेंवन केली. पोरु शॅका घालपाक ऑगस्ट म्हयन्यात कोमेस जाल्ले. मात अंदु कळाव जाला. चवथी उपरांत बेगोबेग शॅक घालपाक पर्यटन खात्यान परवानगी दिवची अशी मागणी हेवेळार संघटनेच्या जाळवणदारांनी मंत्री रोहन खंवटे हांका केला.

हे वेळार पर्यटन मंत्र्यान चवथी उपरांत बेगीनुच शॅका घालपाक परवानगी दिवपाक सुरु करतले अशे आस्वासन दिताना सांगलें.

दर्यादिगेंचेंर जे दलाल भोवतात, तांचेंर आजुनुय पुलिशेन कडक कारवाय करपाची गरज आसा. ते फकत तिकेटीच विकनात, जाल्यार पर्यटकाकं लेगीत नागयतात असो हुस्को पर्यटन मंत्री रोहन खंटे हांणी दलालाच्या प्रस्नाविंशी उलयतना व्यक्त केला.

राज्य सरकारान खाजगी बस येरादारी खातीरची ‘म्हजी बस’ येवजण अधिसूचित केल्या. या येवजणेखाला लावार्थी बस मालकांक दर किलोमीटरा फाटल्यान ५ रुपयांचे अनुदान मेळटले, तशेंच वर्सुकी विमा हप्त्या खातीर चडान चड ४० हजार मेळटले. १५ वर्सांपरस पोरन्यो बशी बदलून नवी बस घेवपी मालकांक १० लाख रुपयांची मदत मेळटली. पूण नव्या बशीन उण्यांत उणे २७ प्रवाशी बसपाचा वेवस्था आसपाक जाय.

सगळया बशिनी 'व्हेईकल लोकेशन ट्रॅकिंग डिव्हायस' आनी ऑटोमॅटिक तिकिट मशीन आसप सक्तीचे आसा. कंडक्टर प्रशिक्षित आसपाक जाय आनी तांणी योग्य गणवेश तशेंच नावांचो बॅज लावपाक जाय. गाडयेचो मालक, ड्रायव्हर वा कंडक्टर हांच्याकडे 'लॉग बुक' सांबाळपाची जापसालदारकी आसतली. तातूंत भोंवडेचो वेळ, अंतर, अपघात आनी दुरुस्तीची म्हायती नोंद करची पडतली. बस स्टँडार आशिंल्ल्या केटीसी नियंत्रण केंद्रात वचून हे म्हायतीची नोंद करप सक्तीचे आसा.

गोंय साधन सुविदा उदरगत म्हामंडळावतीन म्हापसा -मोरोड्या नव्या सरकारी संकुलाची बिल्डींग  बांधपाचो प्रस्ताव म्हामंडळान सराकाराकडेन मांडला. ह्या बिल्डींगेत म्हापसेची वेगवेगळीं सरकारी कार्यालयां एकीकडेन हाडटले अशी म्हायती म्हामंडळाचे अध्यक्ष मायकल लोबो हांणी पणजे पत्रकार परीशदेत  दिल्या.

सुमार ५ हजार चौखण मीटर जागेत ५-६ माळयाची बिल्डींग म्हापशेंत साकारतले. जाल्यार बिल्डीगेंच्या बांधकामाक सुमार 110 कोटी रुपया अदमाशीत खर्च येतलो. ह्या बिल्डीगेंत  १९० कार पार्कींग ,जाल्यार ५०० मोटरसायली पार्क करपाक मेळटल्यो. हांतुन कॅन्टीन, कॉन्फरन्स हॉल, तशेचं हेर सुविदा उपलब्ध आसतल्यो अशी म्हायती मायकल लोबो हांणी दिल्या.

काणकोणच्या गणेशोत्सव मंडळांखातीर काणकोण पालिकेन ‘पर्यावरण-स्नेही आनी नितळ गणेशोत्सव २०२६’ सर्त घडोवन हाडल्या. काणकोण पालिका वाठारांतल्या सगळया गणेशोत्सव मंडळांखातीर ही सर्त उक्ती आसा. पर्यावरणाचो सांबाळ करून जापसालदारकेच्या भावनेन ‘पर्यावरण स्नेही उत्सव मनोवपाक उर्बा दिवप हो ह्या सर्तीचो मूळ हेत आसा.

पालीकेचे मुख्य अधिकारी लक्ष्मीकांत देसाई हाणीं दिल्या म्हाती प्रमाण, सर्तींत वांटो घेवपी मंडळांचे मुल्यांकन तांच्या गणेश मुर्तीची निवड, कोयर व्यवस्थापन, नितळसाण, सजावट आनी लोकांमदी केल्ली जागरुकताय या घटकांचेर आदारीत आसतले.

मंडळांनी चिकण माती वा पर्यावरण-स्नेही साहित्यान तयार केल्ल्यो मुर्ती वापरच्यो. मुर्तीक सैमीक रंग दिल्ले आसचे आनी प्लास्टर ऑफ पॅरिस तशेंच रासायनिक रंगांचो वापर टाळचो. सजावटीखातीर लेगीत सैमीक, आनी थळाव्या साहित्याचोच वापर करचो. मंडळांच्या वाठारांत कोयर वेवस्थापन सक्तीचे आसतले, उत्सवाच्या काळांत मंडळ आनी सरभोवतणचो वाठार पुरायपणान नितळ आनी भलायकेच्या दृष्टीन सुरक्षित उरचो, अशेंय काणकोण नगर पालीका मुखेल अधिकाऱ्यांनी स्पष्ट केले.

विर्डी नूतनीकरण केल्या दोन शाळांचें उक्तावण आयज जालें. मुखेल सोयरे म्हुण मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हाजीर आशिल्ले. गावकरवाडा विर्डी आनी कारेखाजन विर्डी हांगसल्ल्या दोनूय सरकारी मुळाव्या शाळांचे सरकारच्या वतीन नूतनीकरण केला आणि या दोन्ही नूतनीकरण केलेल्या शाळांचे उक्तावण मुखेलमंत्री सावंत हांचे हस्तुकीं जालें.

कोंकणी साहित्यीक आनी फुडारी पद्मश्री एन. पुरुशोत्तम मल्ल्या हे आयज संवसाराक अंतरले. तांची पिराय 97 वर्सा ल्ली. तांकां अखिल भारतीय कोंकणी परिशद आनी गोंयच्या कोंकणी भाशा मंडळान आगर्ां ओंपल्यांत.

केरळांतल्या कोची वाठारांतले एन. पुरुशोत्तम मल्ल्या हांणी कथा, कविता, कादंबरी, निबंद, नाटक ह्या विंगड विंगड साहित्य प्रकारांतलीं सुमार 21 पुस्तकां बरयल्यांत तशेंच मलयाळम भाशेंतल्यान कोंकणी भाशेंत पुस्तकांचो अणकार केला.

गोंय वेधशाळेच्या अदमासाप्रमाण, राज्यांन फुडलें दोन दिस पावस पडपाची शक्यताय आसा, मात हवामानखात्यान पावसाची शिटकावणी जारी करुंग ना.

चीनांन चालू आशिल्ल्या आशियाई हॉकी सर्तीच्या पयल्या उपांत्य फेरयेंत भारतीय दादल्यांच्या पंगडान मलेशियाचेर 3-1 अशी मात करून निमण्या फेरीयेंत सुवात मेळयल्या.